# कारागिर परीक्षेचो निकाल जाहिर

ता. 30 ऑक्टोबर 2018
8 कार्तिक 1940

परीक्षा मंडळान जुलय 2018 घेतिल्ल्या कारागिर परीक्षेचो निकाल जाहिर केला आनी उत्तीर्ण उमेदवारांच्या आसन क्रमांकाची यादी संबंदीत सरकारी आनी खाजगी आयटीआय केंद्राच्या नोटिस बोर्डाचेर लायिल्ली आसा.

सरकारी आनी खाजगी आयटीआयच्या अनुत्तीर्ण आनी नियमीत प्रशिक्षणार्थ्यांनी जानेवारी- फेब्रुवारी 2019 च्या परीक्षेक बसपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज कपाची निमणी तारीख 5 नोव्हेंबर 2018 आसा आनी अशें अर्ज चलन पावतीसयत ता. 12 नोव्हेंबर 2018 मेरेन कुशळताय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय, पणजी हांगाच्या परीक्षा विभागात पावपाक जाय.

तशेंच इंजिनियरींग ड्रॉव्हिंग विशयाच्या गुणांचे फेरमुल्यांकन करपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज करपाचे निमणी तारीख 30 ऑक्टोबर 2018 आसा आनी अशें अर्ज ता. 1 नोव्हेंबर 2018 मेरेन परीक्षा विभागात पावपाक जाय. उपरांत आशिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1618